**राष्ट्रीय गिरायक हक्क दीस कार्यक्रम**

ता. 1 जानेवारी 2021

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान राष्ट्रीय गिरायक हक्क दिसानिमतान आयज संस्कृती भवन, कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो पणजी हांगा कार्यक्रम आयोजीत केल्लो. "गिरायक संरक्षण कायदो 2019 ची नवी वैशिश्ट्यां " अशी कार्यक्रमाची संकल्पना आशिल्ली.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तुकीं कार्यक्रमाचे उक्तावण जाले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गावडे हांणी गिरायकांनी आपल्या हक्कांविशीं जागरूक रावपाची गरज उक्तावन खंयचीय वस्तू खरेदी करतना ताची किंमत, उत्पादनाची तारीख आनी हेर म्हायती पळोवची, असें सांगले.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे सचिव श्री. रूपेश कुमार ठाकुर हांणी गिरायक संरक्षण कायदो 2019 च्या वैशिश्ट्यांची म्हायती करून दिली.

सुरवातीक नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे संचालक श्री. सिध्दीविनायक नाईक हांणी येवकाराचे उलवप केले. पालवी संचालक श्री. फ्रँकलीन फेर्राव हांणी उपकार मानले.

कार्यक्रमाच्या दुसऱ्या सत्रात दक्षीण गोंय जिल्हा गिरायक मंचाचे आदले अध्यक्ष एड. जगदीश प्रभुदेसाय हांणी गिरायक संरक्षण कायद्याचेर मार्गदर्शन केले.

सांस्कृतिक आयोजक श्रीमती सिध्दी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/08

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji